राजभाशा संचालनालय
गोंय सरकार
1 ली लिफ्ट, 5 वो माळो, जुंता हावस, पणजी गोंय
Phone No. : 0832-2420179/2420071(Fax)

राजभाषा संचालनालय
गोवा सरकार
1 ली लिफ्ट, 5 वा मजला, जुंता हावस, पणजी गोवा
Website : www.dol.goa.gov.in

DIRECTORATE OF OFFICIAL LANGUAGE
GOVERNMENT OF GOA
1ST LIFT, 5TH FLOOR,
JUNTA HOUSE, PANAJI-GOA
e-mail : dir-dol.goa@nic.in

No. 13/4/2023/DOL/BPY/ Date: 01/08/2023

गोंय सरकाराच्या राजभाशा संचालनालयाच्या भाशा पुरस्कार येवजणे खाला कोंकणी, मराठी आनी संस्कृत भाशांचे उन्नती आनी प्रसारा खातीर व्हड योगदान दिल्ल्या गोंयांतल्या भाशा विद्वानांक भेटोवपी भाशा पुरस्कारा खातीर वर्स 2019-20, 2020-21 आनी 2021-22 ह्या तीन वर्सां खातीर व्यक्ती/सर्वसामान्य नागरीक/संस्था हांचे कडल्यान नामांकनां मागयतात.

मूळ गोंयकार आशिल्ल्या गोंयांत राबितो करपी आनी अनुवाद, विद्यादान, लेखन आदीं वरवीं भाशेची उदरगत आनी प्रसारा खातीर उण्यांत उणीं 50 वर्सांचें व्हड योगदान दिल्ल्या व्यक्तींच्या नांवांची सकयल दिल्ल्या पुरस्कारां खातीर शिफारस करूं येता.

अ) Durgaram Upadhe Sanskrit Bhasha Puraskar (दुर्गाराम उपाध्ये संस्कृत भाषा पुरस्कार), आ) Dyanpeeth awardee Ravindra Kelekar Konkani Bhasha Puraskar (ज्ञानपीठकार रविंद्र केळेकर कोंकणी भाशा पुरस्कार), आनी इ) B.D. Satoskar Marathi Bhasha Puraskar (बा. द. सातोस्कर मराठी भाषा पुरस्कार).

हे येवजणे संबंदीं अदीक तपशील राजभाशा संचालनालयाच्या कार्यालयांतल्यान प्राप्त करूं येता. नामांकनां विहीत अर्जाच्या फॉर्मांत सगळ्या आवश्यक दस्तावेजां सयत दाखल करचीं. जर एकाद्री संस्था/संघटणा एखाद्रे व्यक्तीच्या नांवाची शिफारस करता जाल्यार संस्थेचो शिक्को आनी अधिकृत व्यक्तीचे स्वाक्षरी सयत संस्थेच्या *लॅटर हेडार* प्रस्ताव सादर करचो.

नामांकन अर्ज वयर दिल्ल्या पत्त्याचेर उपलब्ध आसात. पुराय भरिल्ले अर्ज सगळ्या आवश्यक दस्तावेजां सयत 25 ऑगस्ट 2023 मेरेन वयर दिल्ल्या पत्त्याचेर कामकाजाच्या दिसांनी सादर करूं येता. हे तारखे उपरांत प्राप्त जाल्ले अर्ज विचारांत घेवचे नात.

ह्या वर्सां मजगतीं हे येवजणेंतल्या एखाद्र्या कलमांत सुदारणां केल्यार प्रस्ताव स्विकारपाचो वा न्हयकारपाचो अधिकार सरकारा कडेन उरतलो आनी संबंदीत अर्जदाराचेर तो बांदील असतलो.

सय/-

राजू वि. गावस
संचालक, राजभाशा संचालनालय
आनी सरकाराचो पदसिद्ध जोड सचीव